# Aakashvani Panaji

## Regional News

7.20 pm 22nd Jan 2026

शेतकार, तुस्तेकार, कारागिर, उद्देजक, आनी गांवगिऱ्या तरणाट्यांक सशक्त करून तशेंच सक्षम गांव तयार करप, एमएसएमई घटमूट करप, हरीत उर्जा वाडोवप, आनी स्वयंपूर्ण गोंय आनी विकसित गोंय 2037 चें ध्येय साध्य करप हाचेर सरकाराचें लक्ष आसा अशें मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.ते नाबार्डाच्या गोंय फाट्यावतीन state focus paper उजवाडवपाच्या आयोजीत कार्यावळीत मुखेल सोयरे म्हण उलयताले.Byte cm मुखेल सचीव डॉ व्ही. कान्दावेलु हांणी नाबार्डाच्या यत्नांक लागून आतां लक्ष्य सुमार ₹12,800 कोटी मेरेन वाडलां अशें म्हणला. बँकर्स आनी हेर भागधारकांचे घटमूट सहाय्यक कामगिरी आनी आदार मेळ‌ळयार हें लक्ष्य सहज साध्य जातलें असो विस्वास तांणी उक्तायलो.ह्यावेळार नाबार्डाचे अधिकारी तशेंच शेतकार,बॅंक अधिकारी तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशील्ले,

india energy week ची चवथी आवृत्ती -27 ते 30 जानेवारी मेरेन, गोंयांतल्या ओ.एन.जी.सी बेतुल हांगा जातली. 27 ते 30 जानेवारी मेरेन, गोंयांतल्या ओ.एन.जी.सी बेतुल हांगा जातली. पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयान आयोजीत केल्ल्या ह्या जागतीक उर्जा कार्यावळींत 120 वयर देशांचो वांटो आसतलो, तातूंत 570 प्रदर्शक आसतले. सुमार ५,४०० परिशदेचे प्रतिनिधी आनी ५४० परस चड जागतीक वक्ते हाजीर रावपाचे आसात अशी म्हायती federation of indian petroleum industry चे director general gurmeet singh हांणी दील्या. सगळयांत व्हडल्या आंतरराष्ट्रीय उर्जा मेळाव्यांतली ही एक थारतली.ह्या वर्साची पयली व्हडली आंतरराष्ट्रीय उर्जा एकठांय जावप म्हणून india enrgy week 2026 संवसारभरांतले मंत्री, उद्देग फुडारी, धोरण निर्माते, अर्थीक संस्था, शिक्षणीक आनी तंत्रज्ञान पुरवणदार एकठांय येतले. ह्या परीशदेचे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी virtual रीत्या उक्तिवण करतले अशी म्हायती राजीव जैन हांणी दील्या. Byte rajeev jain भारत सरकाराचे पेट्रोलियम आनी सैमीक वायूचे मानादीक मंत्री हरदीप सिंग पुरी, संयुक्त अरब अमीराताचे मानादीक उद्देग आनी प्रगत तंत्रज्ञान मंत्री डॉ.सुल्तान अहब अल जबर,केनडाचे उर्जा मंत्री Tim hodgson, तशेंच africa middle east, central asia ,आनी global science चे मंत्री वाटो घेतले.

युवा कॉंग्रेस फाट्यावतीन आयज बेरोजगारी आनी म्हारगाये आड पणजे मोर्चो काडलो. आल्तिनोच्या मुख्यमं‍त्र्यांच्या बं‍गल्याकडेन वचपा खातीर वचपाक भायर सरिल्लो मोर्चो पुलिसां‍नी पणजे आडायलो. स्थितीचेर नियं‍त्रण दवरपा खातीर पुलिसां‍नी कांय कार्यकर्त्यां‍क ताब्यांत घेतले. कॉंग्रेस विधीमं‍डळ फुडारी युरी आलेमाव, पक्षाच्या सहप्रभारी अं‍जली निं‍बाळकार, आल्तिन गोम्स, युवा कॉंग्रेस अध्यक्ष अर्चित नायक आनी हेर कार्यकर्ते मोर्च्यांत वाटेकार जाले. पणजेच्या मिनेझीस ब्रागां‍झा सभाघरा लागसार मोर्चाक सुरवात जाले उपरांत कांय अं‍तराचेरूच पुलिसां‍नी मोर्चो आडायलो. ह्या वेळार व्हडा संख्येन पुलीस फौज हाजीर

आशिल्ली.डॉ. प्रमोद सावंंत हांंच्या नेतृत्वाखाला सरकार हुकुमशाय मार्गान काम केल्ल्यान सगले कडेन दादागिरी सुरू आसा. बेरोजगारी वाडिल्ल्यान ताचो निशेध करपा खातीर मोर्चो काडलो. शांंतिकायेन केल्लो हो मोर्चो पुलिसांनी दादागिरीच्या मार्गान आडायलो. लोकशायेंत शातपणान निशेध करपाचो अधिकार दरेकल्याक आसा. हो अधिकारूय गोंयांत ना, अशें युरी आलेमाव हांणी म्हणलें.गोंयांत आयज बायलां सुरक्षीत ना. बेरोजगारी वाडत आसा. बायलां सुरक्षीत नात हाची मोर्चो आडावपी बायलां पुलिसांक लज दिसपाक जाय, अशें अंंजली निंंबाळकार हांणी म्हणलें.युवक कॉंग्रेसच्या अधिकारग्रहण सुवाळया उपरांत दनपरां बेरोजगारीचो निशेध करपा खातीर मोर्चो काडलो.

गोंय सरकाराच्या उच्च शिक्षण संचालनालयान शिक्षणीक संस्था आनी उद्देग हांचे मदले सहकार्य घटमूट करपा खातीर Converge 3.0 हो महोत्सव आयोजीत केला. राज्यातल्यो उच्च माध्यमीक शाळा आनी राज्यभरांतल्या उच्च शिक्षण संस्थांनी ह्या महोत्सवात वांटेकार जावंचे असो उलो आयोजकांनी मारला. ह्या निमतान गोवा गृह विज्ञान महाविद्यालयान ६ फेब्रुवारी २०२६ दिसा अखिल गोंय आंतर–उच्च माध्यमीक शाळा माइम सर्त घडोवन हाडल्या.जेन्ना उतरां उणीं पडटात तेन्ना कृती चड मोठ्यान उलयता - आनी हे सर्तीचो हेतू विद्यार्थ्यांक, हालचालींतल्यान आनी अभिव्यक्ती वरवीं, टिकावू उदरगत ध्येय (एसडीजी) विशीं आपले विचार आनी भावना उक्तावपाक एक मंच दिवप असो आसा. सर्तीचो विशय आसा “ल्हान कृती, व्हड परिणाम.”, ह्या सर्तीत चडान चड शिक्षणिक संस्थांनी वांटो घेवंचो अशे गृह विज्ञान महाविद्यालयान मांगला.

तुये हॉस्पिटल जी.एम.सी कडेन लिंक हॉस्पिटल म्हणून जाहीर अयज भलायकी खात्यान जाहीर केला.ह्या वाठारांत भलायकी सुविधा घटमूट करपाच्या हेतान हो निर्णय महत्वाचो थारतलो.गोंय सरकारान हे वीशी आयज अधिसुचोवणी जारी केल्या.हालीच जाल्ल्या शिंयाळी अधिवेशनावेळार मांद्रेचे अमदिर जीत अरोलकार हांणी तुये नवे हाॅस्पीटल बांदुन लेगीत साबार वर्सासिवन बंद आसा अशे शुन्य वरावेळार सभाघराच्या नदरेक हाडुन दील्ले. ह्यावेळार भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांण 30 जानेवारीमेरेन हे हाॅस्पीटल कार्यरत करता अशे आस्वासन दील्ले. जाल्यार पेडणेच्या जागृत नागरीकांनी हे हाॅस्पीटल 25 जानवारीमेरन उक्ते जायना जाल्यार 28 जानेराकसांवन खर आंदोलन करपाची शिटकावणी दील्ली.हाॅस्पीटल पेडणे,मांद्रे तशेच गोय लागत आशल्ल्या सिंधुदुर्ग वाठारातल्या दुयेतींक उपचार दीवपाच्या नदरेतल्यान महत्वाचे थारतले.

द गोवा काउन्सिल ऑफ आयुर्वेद आनी अदर अलायड इंडियन सिस्टम्स ऑफ मेडिसिन हांचे वांगडा नियोजन, सांख्यिकी आनी मूल्यांकन संचालनालयावतीन आंतरराष्ट्रीय आयुर्वेद आनी निरोगीपण एक्स्पो आनी शिखर सभा 2026 च्या पयल्या आवृत्तीचे फाल्या सकाळीं 10.00 वरांचेर ह्या कार्यावळीचे उक्तावण जातले. ही कार्यावळ बांबोळे डॉ .श्यामा प्रसाद मुखर्जी इंडोर स्टेडियमांत जातली.ह्यावेळारमुखेल सोयरो म्हण केंद्रीय भलायकी मंत्रीजगत प्रकाश नड्डा, गोंयचे मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत ,केरेळाचे राज्यपाल राजेंद्र अर्लेकर, गोंयचो भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे,राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तनावाडे ,पर्यटन मंत्रीृरोहन खंवटे,तशेंच हेर मानेस्त हाजीर रावतले.

साळावली धरण पुनर्वसन येवजणे खाला घरां गेल्या लोकांक पुनर्वसन येवजणे खाला जे भूखंड दिल्या तांचे म्युटेशन आनी सर्वे नंबरात दुरूस्ती करपा खातीर सरकारान समिती स्थापन केल्या. सर्वे नंबरात दुरूस्ती करपा सयत समितीक तीन म्हयन्यात प्रलंबीत म्युटेशनाची प्रक्रीया पुराय करची पडटली. कुशावती जिल्ह्याचे जिल्होधिकारी हे समितीचे अध्यक्ष आसतले. हे विशीची अधिसुचोवणी जारी जाल्या. चुको जाल्या सर्वे नंबरात दुरूस्ती करपा सयत भूखंड नावार करपाची प्रक्रीया पुराय करची पडटली.

शार उदरगत खात्यान 2026 वर्सा नागरी संस्थेक जावपी सार्वत्रिक वेंचणुकेचे तयारेचो एक भाग म्हूण पणजी शार म्हामंडळा खातीर 30 वॉर्डांचो फेररचणुक मसुदो उजवाडायला.खात्यान जारी केल्ले भौशीक सुचोवणे प्रमाण फुडल्या वेंचणुके खातीर शाराची संख्या आनी शिमो हांचे विशीं तपशील ह्या मसुद्यांत दिल्ले आसात. हो मसुदो 21 जानेवारी ते 29 जानेवारी 2026 मेरेन, आयतार आनी भौशीक सुटी सोडून हेर सगळया कामाच्या दिसांनी, कार्यालयीन वेळार मामलेदार, तिसवाडीच्या कार्यालयांत तशेंच पणजी म्हापालीका कार्यालयांत भौशीक तपासणे खातीर उक्तो उरतलो.

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 33.2डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान डिग्री सेल्सिअस 19.4 नोंद जाला. राज्यात वातावरण सुके आणि वताळ आसतले

खेळा आनी युवा वेव्हार खात्यानं आयोजित केल्ल्या १७ वर्सा सकयल्या दक्षिण जिल्हो पातळेवेल्या खो खो  सर्तीचे विजेतेपद बोर्डा हांगाच्या सरकारी multipurpose माध्यमिक विद्यालयान मेळयलें.